# "मलबार ट्री अप्सरा" गोंयचो राज्य फुलपाखो म्हूण जाहीर

16 डिसेंबर २०२१

गोंय म्हळ्यार न्हय फकत सन, सॅण्ड आनी सी, जाल्यार हिंटरलॅण्ड पर्यटन, सैम पर्यटन आनी धार्मिक पर्यटना खातीरय गोंयची वळख आसा. अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. गोंयांत पर्यटन उपक्रमांक उर्बा दिवपाखातीर सगळया प्रकारच्या पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर गोंय सरकाराचे प्रयत्न आसात. अशें तांणी सांगलें.

गोंय सरकाराच्या रानां खात्यान इंटरनॅशनल सेंटर, गोंय हांगा आयोजीत 5 व्या गोंय पक्षी महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळ्याक मुख्यमंत्री मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

पक्षी महोत्सवात भारतातले सोळा प्रतिनिधी आनी विदेशातले चार प्रतिनिधी सहभागी जाल्यात. गोंयांत अनेक आंतरराष्ट्रीय महोत्सव आयोजीत करपात येतात. हालीच गोंयांत भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 52 व्या आवृत्तीचे आयोजन केले. तशेंच भारत आंतरराष्ट्रीय विज्ञान महोत्सवाचेय गोंयांत आयोजन जाले, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणलें.

चोडणाच्या डॉ. सलीम अली पक्षी अभयारण्यात दोन दिस पक्षी महोत्सवाचो कार्यक्रम जातलो. डॉ. सलीम अली पक्षी अभयारण्यात प्रतिनिधींक सुकण्यांच्यो वेगवेगळयो प्रजाती पळोवपाक मेळटल्यो.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मलबार ट्री निम्फला हो गोंयचो राज्य फुलपाखो म्हूण घोशणा केली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोवा बर्ड कॉन्झर्व्हेशन नेटवर्कचे (GBCN) श्री. मंदार भगत हांचो सत्कार जालो.

मुख्य सचीव श्री.परिमल राय, प्रधान सचीव - वित्त श्री. पुनीतकुमार गोयल, मुख्य रानजीव वॉर्डन श्री. संतोष कुमार, प्रधान मुख्य रानां संरक्षक श्री. पंकज अस्थानन ह्या वेळार उपस्थीत आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1053

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji